31st May 2026
8.40am

मुखेल खबरो

1. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सकाळीं 11 वरांचेर, आकाशवाणीचेर जावपी मन की बात कार्यावळींत देश विदेशांतल्या लोकां कडेन आपले विचार मांडटले.
2. ऑपरेशन सिंदूर वेळार, भारतीय नौदळान पाकिस्तान नौदलाक, तांच्या बंदरांनीच मर्यादित रावपाक लायिल्ले, अशें संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हानी सांगलां.
3. म्यानमाराचे राष्ट्राध्यक्ष Min Aung Hlaing पांच दिसांच्या भारत भोंवडेर, नवी दिल्लीत पावले. काल, बिहारांतल्या गयात महाबोधी देवळांत केली पूजा.
4. केंद्र सरकारान फाल्यासावन पेट्रोल, डिझेल आनी विमान इंधनाचेर, सुधारित निर्यात शुल्क लागू केल्यात.
5. आयपीएल क्रिकेटांत, आयज अहमदाबादच्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमार, गुजरात टायटन्स आनी रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू आड, फायनलीचो खेळ जातलो.
6. भारतीय  हवामान खात्यान केरळ, माहे, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकलात बुधवार मेरेन उटानगराचो पावस पडपाचो, अदमास उक्तायला.

MANN KI BAT -

आयज सकाळीं 11 वरांचेर आकाशवाणीचेर जावपी मन की बात कार्यावळींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी देश विदेशांतल्या लोकां कडेन आपले विचार मांडटले. म्हयन्याळ्या रेडिओ कार्यावळीचो हो 134वो भाग आसतलो. हो कार्यक्रम पुराय आकाशवाणी आनी दूरदर्शन नेटवर्क, ए.आय.आर न्यूज संकेतथळ, न्यूज ऑन एअर मोबायल ॲपाचेर प्रसारीत जातलो. तशेंच ए.आय.आर न्यूज, डीडी न्यूज, पीएमओ, आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या युट्युब चॅनलांचेर ताचे थेट  प्रसारण जातलें. आकाशवाणी, हिंदी प्रसारणा उपरांत रोखडिच प्रादेशिक भाशांनी ही कार्यावळ प्रसारीत करतली.

RAJNATH -

ऑपरेशन सिंदूर वेळार भारतीय नौदळान पुराय पाकिस्तान नौदलाक, तांच्या बंदरांनीच मर्यादित रावपाक लायलें, अशें संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हानी सांगलां. लखनौंतल्या नौदल संग्रहालयाच्या 'नौसेना शौर्य वाटिका' उक्तावण सुवाळ्यांत उलोवप करतना मंत्री राजनाथ सिंग हाणी, ऑपरेशन सिंदूर वेळार पाकिस्तानाचेर दबाव कायम दवरपाक, नौदलाचो म्हत्वाचो वांटो आसलो, अशे सांगले. ताका लागून पाकिस्तानाचें पुराय नौदल, ताच्या बंदरांनीच उरलें. पहलगाम आतंकवादी हल्ल्याचो सूड घेवपा खातीर 7 मे 2025 दिसा, ऑपरेशन सिंदूर सुरू केल्लें.

पाकिस्तान आनी पाकिस्तान व्याप्त-काश्मीरांतल्या जायत्या आतंकवादी मुळाव्या साधनसुविधांचेर, भारतीय सैन्यान नेटान हल्लो केलो, अशेय मंत्री राजनाथ सिंग हाणी सांगलें.

MYANMAR -

म्यानमाराचे राष्ट्राध्यक्ष Min Aung Hlaing काल सांजे पांच दिसांच्या भारत भोंवडेर नवी दिल्लीत पावले. केंद्रीय विदेश वेव्हार राज्यमंत्री कीर्ति वर्धन सिंग हानी  विमानतळार तांकां येवकार दिलो. ताचे आदीं काल, म्यानमाराच्या राष्ट्राध्यक्षन बिहारांतल्या गयाक भेट दिवन, महाबोधी देवळांत प्रार्थना केली. ताचे वांगडा जायते मंत्रीमंडळ वांगडी, वरिश्ठ अधिकारी आनी वेवसायीक फुडारी हांचो आस्पाव आशिल्लें, उंचेलें पांवड्यावेले शिश्टमंडळ आसा.  सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत, विदेश वेव्हार मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हांणी म्यानमार राष्ट्राध्यक्षांनी बऱ्याच काळासावन केल्लो द्विपक्षीय सहकार्य आनी खोलायेन केल्ल्या सकारात्मक भावनेची तोखणाय केली. शांतताय, प्रगती आनी समृध्दी खातीर भागीदारी मुखार व्हरपाक,  प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचे वांगडा Min Aung Hlaing हांची  बसका जावपाची आस्त बाळगीता, अशें तांणी सांगलें. दोनूय देशां मदले इतिहासीक आनी संस्कृतीक संबंद आनीक घटमूट करपाविशीं प्रधानमंत्री मोदी हांचेकडेन ते चर्चा करतले. तशेंच वेवसायीक माचयेर वांटो घेतले.

पेट्रोल डिझेल -

केंद्र सरकारान फाल्यां सावन, पंदरा सप्तकां खातीर पेट्रोल, डिझेल आनी विमान इंधनाचेर निर्यात करांत सुदारणा केल्या. ह्या चाली वरवीं अस्तंत आशियांतल्या संकश्टाक लागून निर्माण जाल्ल्या अनिश्चिततताये मदीं, पेट्रोलियम उत्पादनांची फावो ती देशी उपलब्धताय सुनिश्चीत करपाचो, हेत आसा.

COTTON -

सरकारान फुडल्या म्हयन्याच्या पयल्या तारखे सावन, अंदूं 31 ऑक्टोबर मेरेन कापसाच्या आयातीचेर तात्पुरती सुट दिल्या. कापुस शेतकारांचें हित मुखार दवरून, हो निर्णय घेतला अशें कापड मंत्रालयान अधिसुचोवणेंत सांगलां. कापसाच्या ऑफ सीझनांत चालीक लायिल्ल्या ह्या उपायाक लागून, कापड उद्देगा खातीर कापसाची फावो ती उपलब्धताय सुनिश्चीत जातली, एम.एस.एम.ईंक आदार मेळटलो आनी भारतीय कापडाची स्पर्धात्मकता घटमूट जातली, अशें म्हणलां. ह्या उपाया वरवीं शेतकारांचें हित राखून, बाजारांत स्थिरताय सुनिश्चीत जातली हांचेर मंत्रालयान भर दिलो.

ELECTION COMISSION -

वेंचणूक आयोगान आपली कायदेशीर चौकटी आनीक घटमूट करपा खातीर, नवी दिल्लींत भारतीय वेंचणूक आयोगाच्या सल्लागारांची राष्ट्रीय परिशद 2026 आपयल्या. परिशदेचें उक्तावण करतना मुखेल वेंचणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार हांणी सांगलें, कि फेअर रोलांतल्यान फेअर वेंचणूक जाता. देशभरांतल्या न्यायालयां मुखार आयोगाचें प्रतिनिधित्व करपा खातीर, सल्लागारांनी केल्ल्या समर्पीत यत्नांची तांणी तोखणाय केली. परिशदेंत सर्वोच्च न्यायालयांत आनी देशभरांतल्या वेगवेगळ्या उच्च न्यायालयां मुखार आयोगाचें प्रतिनिधित्व करपी आदवोगाद, आयोगाचे मुखेल कार्यकारी अधिकारी आनी वरिश्ठ अधिकारी हाजीर आशिल्ले.

WHO -

संवसारीक भलायकी संघटनेचे सरचिटणीस Tedros Adhanom Ghebreyesus हाणी, काँगो आनी युगांडा हांगा इबोला प्रकोपाक जाप दितना, प्रवासाचेर बंदी घाल्ली वा शिमो बंद केल्ल्या देशांनी या उपायांचेर परतून विचार करचो, अशें सांगलां. ह्या प्रकोपाचें केंद्र आशिल्ल्या उदेंत काँगोच्या बुनिया हांगा उलयतना तांणी, अशा निर्बंधांक लागून प्रकोप नियंत्रण चड कठीण जावंक शकता, अशे सांगला. तांच्या बुनिया भेटीचो हेतूच हो, बाधित समाजा कडेन थेट संपर्क सादप आनी चड त्रास जाल्ल्या वाठारांनी प्रतिसाद दिवपाच्या यत्नांक, आदार घटमूट करप असो असा, अशे टेड्रोस हाणी म्हळें.

गोंय घटक राज्य -

गोंय राज्य ल्हान पूण सोबीत आसा. गोंयची अस्मिताय, संस्कृती, परंपरा आनी वेगळेपण सामाळुन, गोय सरकारान गोंयची उदरगत करची, अशे उप राष्ट्रपती सी. पी. राधाकृश्णन हांणी म्हटला. 40व्या गोंय घटक राज्य दीसाच्या कार्यावळीत ते मुखेल सोयरे म्हण उलयताले.

मुळावी बांदावळ, शिक्षण, भलायकी, डिजिटल गव्हर्नन्स ह्या मळार गोंयान उल्लेखनीय कामगिरी केल्या. गोंय कर्मचारी निवड आयोगावतीन केल्ली पारदर्शक नोकर भरती प्रक्रिया तोखणायेची आसा. स्वताची अस्मिताय तिगोवन दवरून, उदरगत साध्य जाता, हें गोंयान दाखोवन दिलां, अशे उप राष्ट्रपती सी. पी. राधाकृश्णन हांणी म्हटला.

JK Holiday -

जम्मू-काश्मीराची मंत्री सकीना इटू हांणी जम्मू विभागाच्या उमाशेच्या वाठारांत येवपी सगल्या सरकारी आनी खाजगी म्हाविद्यालयांक, 1 जून ते 15 जुलय मेरेन गिमाची सुटी जाहीर केल्या. उष्णतायेचो  हंगाम सुरू जाल्ल्यान आनी विद्यार्थी, शिक्षक, प्राध्यापक आनी म्हाविद्यालयांतल्या कर्मचाऱ्यांची भलायकी सुनिश्चीतकरपा खातीर हो निर्णय घेतला, अशें ताणी  सांगलें. 15 जुलयाक सुटयेचो काळ सोंपतकच सगल्या म्हाविद्यालयांनी नेमान शिक्षणीक कार्यावळी सुरू जातल्यो, अशी म्हायती मंत्री सकीना इटू हांणी दिली.

SKY CAST -

नवी दिल्लीच्या आय.जी.आय विमानतळार, स्काय कास्ट प्रणाली सुरू केल्ल्याची, केंद्रीय नागरी विमानन मंत्री राम मोहन नायडू हांणी तोखणाय केल्या. स्काय कास्ट सारकिल्या प्रगत हवामान निरिक्षण प्रणाली वरवीं, धुकें आनी अस्थिरताये वेळार उड्डाण कार्यावळींत खूब सुदारणा जावंक शकता, अशें तांणी सांगलें. देशभरांतल्या विमानतळां मेरेन हें तंत्रज्ञान पावतले, तशें तें सुरक्षीतताय घटमूट करतलें आनी प्रवाशांचे प्रवास अणभव सुधारतले, अशेंय तांणी मुखार सांगलें.

CRICKET -

आयपीएल क्रिकेटांत, आयज अहमदाबादच्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमाचेर, गुजरात टायटन्स आयज 2026 हंगामाच्या फायनलींत रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू आड खेळटलो. ही मॅच सांजे 7:30 वरांचेर सुरू जातली.

IMD -

भारतीय  हवामान खात्यान केरळ, माहे, तमिळनाडू, पुडुचेरी, आनी कराईकलात बिरेस्तारा मेरेन उटानगराचो पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. तशेंच फाल्यां मेरेन ओडिशा, कर्नाटक, मध्य प्रदेश, आनी देशाच्या ईशान्य वाठारांत व्हडा प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय आसा. मजगतीं, हवामान खात्यान आयज कोंकण आनी गोयांत उश्ण आनी दमट हवामानाचो अदमास उक्तायला.

Announcement –

ही आसा एक कळोवणी. आकाशवाणी पणजी ‘कॅज्युअल असाइनीज’, न्यूज रीडर-कम- ट्रान्सलेटर ह्या वर्ग वारीत, तात्पुरत्या कराराचेर पात्र उमेदवारां कडल्यान अर्ज मागयता. उमेदवार पदवीधर, पीराय 21 ते 50 वर्सां, कोंकणी भाशेचें बरें गिन्यान, अणकार करपाचें कसब तशेच प्रसारणाखातीर योग्य आवाज आसपाक जाय. आपलो अर्ज ‘हेड ऑफ आर.एन.यू, आकाशवाणी आल्तिन्हो पणजी, हांगा सादर करचो. अर्ज करपाक निमणी तारीख 1 जून अशी आसा. अदिक म्हयती खातीर ७०२०-६७२७-१० ह्या क्रमांकाच्येर संपर्क सादचो.

एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

1. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सकाळीं 11 वरांचेर, आकाशवाणीचेर जावपी मन की बात कार्यावळींत देश विदेशांतल्या लोकां कडेन आपले विचार मांडटले.
2. ऑपरेशन सिंदूर वेळार, भारतीय नौदळान पाकिस्तान नौदलाक, तांच्या बंदरांनीच मर्यादित रावपाक लायिल्ले, अशें संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हानी सांगलां.
3. म्यानमाराचे राष्ट्राध्यक्ष Min Aung Hlaing पांच दिसांच्या भारत भोंवडेर, नवी दिल्लीत पावले. काल, बिहारांतल्या गयात महाबोधी देवळांत केली पूजा.
4. केंद्र सरकारान फाल्यासावन पेट्रोल, डिझेल आनी विमान इंधनाचेर, सुधारित निर्यात शुल्क लागू केल्यात.
5. आयपीएल क्रिकेटांत, आयज अहमदाबादच्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमार, गुजरात टायटन्स आनी रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू आड, फायनलीचो खेळ जातलो.
6. भारतीय  हवामान खात्यान केरळ, माहे, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकलात बुधवार मेरेन उटानगराचो पावस पडपाचो, अदमास उक्तायला.